# प्रदर्शन तथा वेपार मेळाव्याचें आयोजन

ता. 25 सप्टेंबर 2024

भारत सरकारच्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देंग मंत्रालयाच्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देंग विकास आनी सुविधा कार्यालय, गोंय हांणी गोंय सरकारचे उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय, हस्तकला, लुगट आनी काथ्याकाम संचालनालय, सीएससी केंद्र आनी हेर वेवसायिकांच्या सहकार्यान पीएम विश्वकर्मा येवजणे खाला 27 ते 29 सप्टेंबर 2024 मेरेन बीपीएस स्पोर्टस् क्लब, मडगांव हांगा प्रदर्शन तथा वेपार मेळाव्याचें आयोजन केला. सकाळी 10.00 ते सांजेची 7.00 असो प्रदर्शनाचो वेळ आसा.

मेस्तकाम, बोट बांदकाम, शस्त्रां तयार करपी, लोहार, हातोडी आनी टुलकीट तयार करपी, कुलुप तयार करपी, सुवर्णकार, कुंभार, शिल्पकार, फातर फोडपी, चामार, गंवडी, पांटलो तयार करपी, शेंदरी तयार करपी, काथो विणपी, सान्न तयार करपी, खेळणीं तयार करपी, म्हालें, फुलाहार तयार करपी, धोबीं, टेलर, जाळी विणपी, अशें 18 वेवसायिक प्रदर्शनात वाटो घेतले.

गोंय राज्यांतल्या पारंपरीक वेवसायिकांची उत्पादनां आनी सेवांक वेपार सुविधां दिवप आनी विश्वकर्मांच्या कामाविशीं जागृताय करप हो ह्या प्रदर्शनाचो उद्देश आसा. लोकांनी ह्या प्रदर्शनाक भेट दिवची आनी गोंयच्या पारंपरीक वेवसायिकांक प्रोत्साहन दिवचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/509

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.